# Akashwani Panaji Regional news 7.25 am 11th jan 2025

भारतीय  जनता पक्षाच्या गोंय फाट्यावतीन विकसित भारत - रोजगार आणि आजीविका हमी अभियान (ग्रामीण)  ह्या कायद्याचे केंद्रिय अक्षय उर्जा मंत्री श्रीपाद नायक आनी प्रवासी भारतीय वेव्हार आयुक्त एड. नरेंद्र सावयकार हांणी स्वागत केला .पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले. केंद्र सराकरान चालीक लायिल्ली ही येवजण सर्नसामान्य मनशांक आत्मनिभर करपी आसा अशे केंद्रिय अक्षय उर्जा मंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हणला.

ह्या कायद्यावरवी गरजेवंताक  जगार आनी अर्थिक सक्षम करपाची ताक आसा अशे नरेंद्र सावयकार हांणी म्हणला.

काणकोण तालुक्यातल्या आमोणे - पैंगीण ह्या वाठारात रुप्या उत्सवी आदि लोकोत्सव महोत्सव चालू आसून आयज दुसऱ्या दिसा जाल्ल्या सुवाळ्यात ह्या महात्सवाचे मुखेल आयोजक आनी कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांचो कॅलिफोर्निया हांगाच्या 'द अमेरिकन युनिव्हसिर्टी' ह्या विद्यापिठाचे कुलगुरु मधुकृशन हांणी भांगरा पदक दिवन भौमान केलो. तवडकार हांणी जे सामाजिक काम केला ते खातीर हो भौमान अशें मधुकृशन हांणी सांगलें. तीन दिसांच्या ह्या महोत्सवाच्या आयच्या दुसऱ्या दिसा गोंय राज्याचे भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, आदल्यो केंद्रीय मंत्री डॉ. भारती पवार ह्या हाजीर आसल्यो.

मुख्यमंत्री देवदर्शन यात्रेवरवी 19, आनी 26 जानेवारी , तशेंच 2 फेब्रुवारी ह्य काळात   अयोध्या दर्शन यात्रेचे आयोजन केला. 50- 70 वर्सा पिरायेच्या मनसांक

देवदर्शन येवजणेचो नोंदमी केले उपरांत लाव घेवपाक मेळटा. ह्य येवजणेचो लाव घेवपाखातीर www.yatraconnect.in/ registerकरप सक्तीचे आसा.

गोंय भारतांतलें एक मुखेल पर्यटन थळ म्हूण आपली सुवातराखून आसा कोविड म्हामारी उपरांत पर्यटन मळार बरीच वाड जाताना 2025 वर्सा 1.08 कोटी पर्यटक गोयात आयल्या. 2025च्या ताज्या आकडेवारी प्रमाण, गोंयांत 1 कोटी,02 लाख,84, हजार 608 देशांतर्गत आनी 5, लाख 17, हजार 802 परदेशी पर्यटक आयले आनी वट्ट पर्यटकांचो आंकडो 1 कोटी,,08 लाख,02, हजार 410 इतलो जालो.

अमृत 2.0 मिशन खाला शहरी विकास प्रधिकरण आनी साखळी नगरपालिका यांच्या जोडपालवान स कोटी रुपयांचो वाळवंटी फ्रंट सौंदर्यकरण प्रकल्प कामाचो शुभारंभ आमी केला . निर्धारित वेळेत हो प्रकल्प पुराय जातलो अशी माहिती सांखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हीणे दिल्या .अमृत 2.0 मिशनाखाला साखळेच्या महत्त्वकांक्षी अशा प्रकल्पात वाळवंटी न्हंयचे काठाचे सौंदर्यकरण, सभाघर ,योगासन पार्क , बालोद्यान या कामांचो आस्पाव आसा.

दिवचल नगरपालिका वाठारात बेवारस स्थितीत भोवपी भटक्या कुत्र्यांचो बंदोबस्त करपाखातीर मिशन रेबीज खाला दिवचल नगरपालिकेच्या जोडपलवान खास मोहीम आखल्या आनी हे मोहिमेक बरेतरन प्रतिसाद मेळटा अशें मत दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणी उक्तायला. आयज खबराकारांकडेन उलयताना नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणी सांगले की काय महिने पयली भटक्या कुत्र्यांक लागून काय लोकांक जखमो जाल्लौ.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाणआयज पणजेत चडात चड तापमान३3.3.6औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे १९  औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

दिवातल्या घोघला बिचार चाली आशिल्या  खेलो इंडिया बीच गेम्सत ,दादलांच्या व्हॉलीबॉल सर्तीत गोयच्या तेजस आनी प्रबल ह्यांचे जोड्येन भांगरा पदक जिंखले.